# मडगांवा जिल्हा पांवड्यावयल्या स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात उपमुख्यमंत्र्याहस्तुकीं तिरंगो बावटो हुबयलो

ता: 15 ऑगस्ट, 2021

मडगांवच्या माथानी साल्डाना प्रशासकीय संकुलांत आयोजीत जिल्हा पांवड्यावयल्या 75व्या भारतीय स्वातंत्र्य दीन सुवाळ्यात उपमुख्यमंत्री श्री चंद्रकांत (बाबू) कवळेकर हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो.

ह्या वेळार उलयताना श्री कवळेकर हांणी गोंयच्या लोकांक स्वातंत्र्य दिसाची परबीं भेटोवन देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर स्वातंत्र्य सैनिकांनी केल्ल्या त्यागाचो उगडास केलो.

गोंय राज्यान उदरगतीच्या मळार केल्ल्या प्रगतीचो नियाळ घेतना श्री कवळेकर हांणी राज्यात शेती वेवसायाक प्रोत्साहन दिवपाखातीर शेतकारांच्या फायद्याखातीर कृशी खात्यान सूरू केल्ल्या साबार येवजणांची म्हायती दितना गोंयाक शेती म्हालाच्या बाबतीत आत्मनिर्भर करपा खातीर लोकांनी शेती वेवसायाकडेन वळपाचो उलो मारलो. खण, पर्यटन आनी हेर उद्देगां वांगडाच कृशी क्षेत्राच्या वाडिखातीर सरकार प्रयत्न करता. राज्यांतलो एकय शेतकार विंगड विंगड कृशी येवजणो, अनुदान आनी सुविधांपासून वंचित उरचो न्हय ह्या खातीर कृशी विभाग चोवीस वरां कार्यरत आसा. ह्या वर्सा वेगवेगळ्यां भाज्यांचे 3200 किलो बियाणे शेतकारांक तांच्या दारात व्हरून वाटले, जाका लागून राज्यात भाज्यों उत्पादनात 36% वाड जाली. तशेंच ह्या वर्सा राज्यात 40 टन वेगवेगळ्या प्रकाराच्या फळांचे उत्पादन जालें, अशेंय तांणी सांगलें.

सरकारान वेगवेगळ्या पिकांच्या आधारभूत दरातय वाड केल्ली आसून येणाऱ्या काळात शेतकऱ्यांचे उत्पन्न दुपेटीन वाडोवपाखातीर सरकारान पावलां उबारल्यात, अशेंय श्री कवळेकर हांणी सांगलें.

सुवाळ्याच्या थळार उपमुख्यमंत्री श्री कवळेकर हांका पुलीस अधीक्षक श्री पंकज कुमार सिंह हांणी येवकार दिलो. तिरंगो बावटो हुबयल्या उपरांत श्री कवळेकर मानवंदना दिवन संचलनाची पळोवणी केली.

कला आनी संस्कृती विभागाच्या संगीत शिक्षकांच्या पंगडान देशभक्ती गीतां सादर केली.

ह्या वेळार उपमुख्यमंत्र्याहस्तुकीं भलायकी अधिकारी डॉ अंजू खरंगटे; कनिष्ठ चिकित्सक डॉ आयोना बार्रेटो; स्टाफ नर्स श्रीमती लिंताशा मिरांडा; श्री सुशांत मुळगांवकर; GHRDC चे कर्मचारी, श्री सचिन मिसाळ, श्रीमती रेणुका हुन्नेकेरी आनी सुरक्षा रक्षक श्री संतोष गांवकर हांचो कोविड योद्धे म्हूण सत्कार केलो. तशेंच नशा मुक्ती अभियान अंतर्गत आयोजीत सर्तीतल्या जैतवंतांक इनामां भेटयली.

सुवाळ्याक राज्यसभा खासदार, श्री विनय तेंडुलकर; आमदार श्री विल्फ्रेड डिसा, श्री क्लाफासिओ डायस, श्री चर्चिल आलेमाव, श्री आलेक्स रेजिनाल्ड, दक्षीण गोंय जिल्हा पंचायत अध्यक्षा श्रीमती सुवर्णा तेंडुलकर; जिल्हाधिकारी श्रीमती रुचिका कट्याल; अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री सुरेंद्र नाईक, श्री संजीत रॉड्रिगस, जिल्हा पंचायत वांगडी, नगरसेवक, सरपंच, पंच आनी दक्षीण गोंय जिल्हा प्रशासनाचे वरिश्ट अधिकारी उपस्थित आशिल्ले.

श्री अनिल पै हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/693

-

-

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji